आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खबरो

13.10.2025 @ 7.20 pm

- मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज मये दीवचल, अस्नोडा,नास्नोडा, आनी म्हापशेच्या लावार्थ्यांक म्हजे घर येवजणेचे अर्ज वांटले
- लोकायुक्तांचे नेमणुकेची प्रक्रीया सरकारा कडल्यान सुरू आसा अशें ऍडव्होकेट जनरल देविदास पांगम हांणी म्हणला
- दक्षिण गोंय जिल्ह्यांतल्या असुरक्षित/जर्जर इमारती/मोडकळीक आईल्या इमारती संबंदी दक्षिण गोंय जिल्हो प्रशासनान भौशीक सल्लागार जारी केला

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी आयज मये दीवचल, अस्नोडा,नास्नोडा, आनी म्हापशेच्या लावार्थ्यांक म्हजे घर येवजणेचे अर्ज वांटले.म्हजे घर हो सरकारान चालीक लायील्लो म्हत्वाचो उपक्रम .हो उपक्रम म्हळयार गोंयच्या जमनी आनी घरां सुदारणेंत एक मुखेल पावल आसा, कीचकट कारणांखातीर ज्या कुटुंबांक हक्क नाशिल्ल्लो, कायदेशीर मालकी नाशील्ली तांका ह्या उपक्रमावरवी आता हक्काचे घर मेळटले अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. हाका लागुन आता अशा घरकारांक स्वाभिमान, आनी सुरक्षेसयत तांच्या घरान आपल्या स्वतच्या मालकीच्या घरान रावपाक मेळटले अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा. सगळया अर्जांचेर थारावीक वेळा भितर प्रक्रिया जातली .सगळया पात्र गोंयकारांक अर्ज करपाक आनी ह्या परिवर्तनकारी कार्यावळीचो फायदो घेवचोअशे आवाहन ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान केला

गोंय पुलिशेन 11 ऑक्टोबराक राज्यभर नाकाबंदी मोहीम राबयील्ली. ह्या मोहिमेत पुराय गोंयांत 35 जणांक अटक जाली. अधिकृत आंकडेवारी प्रमाण उत्तर गोंयांत 2,560 व्यक्ती आनी 1,992 गाडयो तपासली, थंय पुलिसांनी 23 प्रतिबंधात्मक अटक केल्या. दक्षिण गोंयांत 1,419 व्यक्ती आनी 980 गाडयो तपासली जाका लागून 12 प्रतिबंधात्मक अटक जाल्यात. कोटपा खाला वट्ट 86 उल्लंघन आनी राज्यात भौशीक सुवातीनी धुमशेणा घालपी आनी थूकप्यांचेर आनी सिगार ओडप्यांचेर 88 केशी नोंद जाल्यात अशी म्हायती गोंय पुलीशेन दील्या.

आकाशवाणी पणजी केंद्र कंत्राटी पद्धतीचेर खबरा वाचका खातीर अर्ज मागयता. पदवी धर कोकणी भाशेचे पुराय गिन्यान तशेच भाषांतर करपाचेर प्रभुत्व आसप गरजेचे. अर्ज पावपाची निमणी तारीख 20 oct आसा. अधिक माहिती खातीर आकाशवाणीच्या खबरा विभागा कडे संपर्क साधचो.

लोकायुक्तांचे नेमणुकेची प्रक्रीया सरकारा कडल्यान सुरू आसा. 6 सप्तकांत नव्या लोकायुक्तांची नियुक्ती करतले, अशें निवेदन ऍडव्होकेट जनरल देविदास पांगम हांणी एका याचिकेवेले सुनावणे वेळार उच्च न्यायालयांत केलें. ह्या निवेदना उपरांत उच्च न्यायालयान ट्रॉजन डिमेलो हांची याचिका निकालांत काडली.

लोकायुक्तपद रितें आशिल्ल्यान लोकायुक्त कायद्याची कार्यवाय ठप्प आसा. खुबश्यो कागाळी तशेंच याचिका आडकून आसात. बेगोबेग लोकायुक्तांची नियुक्ती करपाची मागणी करपी याचिका ट्रॉजन डिमेलो हांणी उच्च न्यायालयांत केल्ली. ही याचिका निकालांत काडली.

निवृत्त न्यायाधीश अंबादास जोशी हांचो कार्यकाळ सोंपले उपरांत राज्याचें लोकायुक्तपद रितें आसा.

वाडे वास्कोच्या सेंट एंड्रीव उच्च माध्यमिक विद्यालयान अखिल गोंय लोकनाच सर्त आयोजित केल्या. भारतीय लोकनाच ह्या मध्यवर्ती संकल्पनेचेर ही सर्त घडोवन हाडल्या. रीदम रंबल ह्या नावाखाला जावपी ही सर्त दोन गटांनी जातली. एक – शालेय गट आनी दोन – उक्तो गट. दोनूय गटांखातीर १० हजार, ७ हजार आनी ३ हजार अशी रोख ईनामा आसात. १६ ऑक्टोबरांक वास्कोच्या साग मैदानाचेर ही सर्त जातली. राज्यातल्या सगळ्या माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक विद्यालयांनी १५ ऑक्टोबर मेरेन अर्ज भरून हे सर्तीत वांटो घेवंचो अशे आवाहन सेंट एंड्रीव उच्च माध्यमिक विद्यालयाचे प्राचार्य डॉ. एल्विस गोन्साल्वीस हांणी केलां.

कला अकादेमीन शाळा, उच्च माध्यमीक आनी महाविद्यालय पांवड्यार एकांकी सर्त जाहीर केल्या. हाचे खातीरचे अर्ज कला अकादेमीच्या कार्यालयांत सकाळीं १० ते दनपारां १ आनी दनपारां २ ते सांजे ४ मेरेन २४ ऑक्टोबर २०२५ मेरेन स्वीकारतले..ह्या सर्ती खातीर छापिल अर्ज कला अकादेमीच्या येवकार कक्षांत उपलब्ध आसात. www.Kala Academy Goa.co.in ह्या संकेतथळारय हे अर्ज उपलब्ध आसा. उसरा वा अपूर्ण अर्ज

स्विकारचे नात हाची संबंदीत सगल्यांनी दखल घेवची अशें कला अकादमीचे कार्यावळ अधिकारी प्रदीप गांवकार हांणी जारी केल्या पत्रकात म्हळां.

कोलवा आशिल्ल्या मिनीन जेजू म्हळयारच बाळक जेजू इगर्जेत आयज फामाची परब व्हडा उमेदीन मनयली.हे इगर्जेचे मुखेल फेस्त २३ आॅक्टोबराक जातले आनी ह्या फेस्ताची फाम म्हळयारच दवंडी सगळया गावात घालपाच्या उद्देशान धा दिसां आदी हो फाम उत्सव मनयतात. ही फाम घाल्या उपरांत फुडले ९ दीस हे इगर्जेत नोव्हेना जातली. आनी उपरांत २३ आॅक्टोबराक मुखेल फेस्त जातले. आयज फाम उत्सवाच्या निमतान पयले मिस फांतोडेर साडेपाच वरांचेर फादर पोली लोबो हांच्या मार्गदर्शनाखाला जाले. त्या उपरांत दनपरां पुरुसांव जाले.

दक्षिण गोंय जिल्ह्यांतल्या असुरक्षित/जर्जर इमारती/मोडकळीक आईल्या इमारती संबंदी दक्षिण गोंय जिल्हो प्रशासनान भौशीक सल्लागार जारी केला.ते प्रमाण नागरिकांनी खंयचीय असुरक्षित वा संरचनात्मक नदरेन दुबळी इमारतीची कागाळ थळाव्या पालिकेक करची आनी वाठार नगरपालिका मर्यादे भायर आसल्यार संबंदीत गट विकास अधिकाऱ्याक कळोवची. अशा जाग्यार रावपाक वा अशी सुवाती वापरपाक नागरीकांनी टाळचे असो सल्लो दक्षिण गोंयची जिल्हधीकारी एग्ना clitus हाणी दिला. खंयच्याय अप्रिय घडणुके खातीर इमारतीचो मालक जापसालदार आसतलो अशें नोटिशेंत म्हळां. खंयचेय आपत्कालीन परिस्थितीत, हेल्पलायन क्रमांक 112 वा 2794100 कडे संपर्क करूं येता.

केंद्रीय रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव यांनी घोषणा केल्या की रेल्वे संरक्षण दल (RPF) खातीर भरती आता दरवर्सा कर्मचारी निवड आयोग (SSC) वरवी करतले. ताणी म्हणाले की, RPF कर्मचाऱ्याक रोखडेच VHF संचांनी सुसज्ज करतले आणि त्यांच्या कार्यक्षमतेत वाढ करपाक तांका प्रगत डिजिटल आणि ड्रोन प्रशिक्षण दितले byte

कला आनी संस्कृती संचालनालया वतीन चित्रकला, डिजिटल कला सर्जनशील लेखन, कथाकथन, गायन, संगीत, नृत्य आनी अभिनय अशा विविध कला प्रकारांत विविध पिराय गटा खातीर राष्ट्रीय पांवड्याचेर ऑनलायन वर्सुकीं "कलांतर 2025" कला महोत्सव आयोजीत

करतले. कलांतर ही देशातली एक नामनेची संस्था आसून 2012 काम करता आनी कलेच्या माध्यमातल्यान सामाजीक बदल घडोवन हाडपाचो यत्न करता. संस्था वेगवेगळया पिराय गटात विविध राष्ट्रीय पांवड्याचेर सर्तींचे आयोजन करता. ह्या कार्यक्रमाचे खाशेलपण म्हळयार बंदखण, वृद्धाश्रम, बायला आश्रयस्थान, आनी अनाथाश्रमातली भुरगीं सर्तींनी वाटो घेतात. कलांतर 2025 खातीर सगळया गटात ऑनलायन प्रवेश अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीख 21ऑक्टोबर

अदीक माहिती खातीर संकेत थळाक भेट दिवची

प्रधानमंत्री गती शक्ती – ह्या राष्ट्रीय मुखेल येवजणेन सरकाराच्या नदरेतलयान भारताच्या पुराय मुळाव्या साधनसुविधा नियोजनांत बदल केला.पीएम गतिशक्तीचे उद्दिश्ट म्हणलयार वेगवेगळया येरादारी पद्दतींतल्यान लोक, माल आनी सेवेत विनाशिल आनी कार्यक्षम जोडणी दिवपा खातीर फुडले पिळगेची मुळावी बांदावळ तयार करप. जिणेची सोय वाडोवप, वेवसाय करपाची सोय वाडोवप आनी आडमेळी उणे करप आणि कमी खर्च कार्यक्षमतेन कामां बेगीन पुराय करप. निमाण्या मैला मेरेन जोडणी वाडोवप आनी प्रवास वेळ उणो करप.

ओडिआतल्या भुवनेश्वरात सुरु आशिल्या ४०व्या राष्ट्रीय ज्युनियर अँथलेटिक्स सर्दीत गोयच्या आर्ची कातकर हिने चलयाच्या १४ वर्षां सकयल्यां गटात ट्रायथलॉन सर्तीत रूपा पदक जिखले.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 33.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 24.8 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता